**जिल्हा पंचायत वेंचणूक -मतदान आनी मतमेजणी केंद्रा भोवतणची हॉटेल्स, खानावळीं बंद दवरपाचो आदेश**

ता. 17 डिसेंबर 2025

दक्षीण आनी उत्तर गोंय जिल्हा पंचायत मतदारसंघ वेंचणूके खातीर जावपी मतदान आनी मतमेजणीच्या फाटभुंयेर ता. 20 डिसेंबर मतदानाच्या दिसा मतदान केंद्रा लागी आनी ता. 22 डिसेंबर मतमेजणीच्या दिसा मतमेजणी केंद्रा लागी लोकांची गर्दी आनी कायदो आनी सुवेवस्थेची समस्या जावची न्हय म्हूण दक्षीण आनी उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान मतदानाच्या दिसा सकाळी 6.00 ते सांजेची 8.00 वरां मेरेन आनी मतमेजणीच्या दिसा सकाळी 6.00 वरां ते मतमेजणी पुराय जाय मेरेन अनुक्रमान मतदान आनी मतमेजणी केंद्रा भोवतणच्या 200 मिटर वांठारांतली सगळीं हॉटेलां, रेस्टोरंटां, आस्थांपनां, बार्रां, च्याची दुकांना, पानशॉप, खानावळीं आनी अन्न जीन्नस विकपी धाबें, गाडे आनी हेर दुकांना बंद दवरपाचो आदेश दिला.

तशेंच जिल्हा पंचायत मतदारसंघ मतदान केंद्रा भोवतणच्या 200 मिटर वांठारांत कसल्याय प्रकारचो जमाव करपाक वा 5 परस चड व्यक्ति एकठाय येवन गर्दी करपाक बंदी घातल्या. हो आदेश मोडप्यांआड भारतीय नागरीक संहिता 2023 च्या कलम 223 खाला दंडात्मक कारवाय जातली.

कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, अंतविधी वा धार्मिक मिरवणूकी खातीर वयलो निर्बंध आसचो ना. तशेंच वयलो आदेश वेंचणूकीच्या कामार आशिल्ले अधिकारी, मतदान अधिकारी जिल्हाधिकारी, पुलीस आनी सरकारी अधिकाऱ्यांक लागू आसचो ना.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/963

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.